# दासबोध परिचय

## प्रश्नपत्रिका १ ली

### देहदुर्लभनिरूपण

**(द. १८ स. ४)**

प्र. १ सकल अर्थ बरयला त्या अर्थाप्रमाण समासातल्यान होवयो सोदून पूर्ण करात.

१) हो देह आसा म्हणून मनशाक बोरोवप आनी लिपीची वळख जावप हें करपाक येता.

२) ब्रह्मांडाचें खूप व्हड जाल्लें फळ म्हणजेच देह.

प्र. २ सकल दिल्ल्या कवितांच्या ओ ळीचो अर्थ पांच वाक्यांनी बरयात.

१) देहाखातीर वेर्थ जावचे | आणि धन्य ||

२) देह म्हळ्यार परलोकींचें तारूं |

प्र. ३ “मनशा  भीतर देव आसा” असो उपदेश केल्ल्या समर्थांनी व्यवहार कसो आसचो हें सांगलां, ह्यो व्यवहाराच्यो होवयो खंय आसा तें बरयात.

प्र. ४ सग ळ्या समासाचो सारांश सुमार १० ओळीनी बरयात.

---

## प्रश्नपत्रिका २ री

**स्वगुणपरीक्षा (अ), (ब), (क) आनी (ड)**

**(दशक ३ समास २, ३, ४ व ५)**

प्र. १ एका पाप्याच्या जीवनाचो वावर समर्थांनी बरयला तो पंदरा ओ ळीनी बरयात.

प्र. २ मनशाक आवयच्या मायेची आणि देवाच्या कृपेची याद केन्ना येता अशें वयल्या समासांत म्हळां त्यो फक्त होवयो बरयात.

प्र. ३ भुरग्यांचें मानसशास्त्र समर्थांक खबर आशिल्लें अशें ह्या समासांत खंय खंय दिसता त्यो फक्त होवयो बरयात.

प्र. ४ सकल दिल्ल्या अर्थाच्यो ओ ळी ज्या चरणात दिसता त्यो फक्त होवयो बरयात.

१) जन्मभर स्वार्थ केलो |

२) म्हणून धन्य धन्य ते प्रपंची जन |

३) भुरगीं उदंड जालीं |

## प्रश्नपत्रिका ३ री

### मूर्खलक्षण, पढतमूर्खलक्षण

### (दशक २ स १ आनी १०)

प्र. १ सकल दिल्ल्या अर्थाच्यो होवयो बरयात.

१) गर्वाक लागून सगल्यांक नांवां दवरता तो एक पढतमूर्ख.

२) बेष्टोच हासता, कोणी कीदेंय सांगल्यार आयकता, तो एक मूर्ख आसता.

३) आपुण बेश्टीच बडबड करता , बडबडो आसता ताका लागून दुस-याच्या उलोवण्याक कमी लेखता तो एक मूर्ख आसता.

४) भुरगो, बायल होच आपलो आधार मानून देवाक विसरता तो एक मूर्ख आसता.

५) संसाराची आस धरता, देवाचो तिरस्कार करता तो एक मूर्ख आसता.

प्र. २ सकल दिल्ल्या होवयांचे अर्थ स्पष्ट करात.

१) आयकत आसतना | देहाक उणेपण आयलें जाल्यार | बरोच फडफड करता | तो एक पढतमूर्ख ||

२) कोळ्याच्या धाग्यान हत्तीक बांदात | लोभाक लागून भुरमुटो मरता |
असो जो संसारात घुस्पता | तो एक पढतमूर्ख ||

प्र. ३ मुर्खांचे दोन प्रकार समर्थांनी सांगिल्ले , त्या दोनायभीतर वेगळेपण खंय आसा ?

प्र. ४ विद्यार्थ्यांफुडें देक दिवपी भाषण करतना 'मूर्ख लक्षण' समासातल्या खंयच्या होवयांचे टिपण करचें अशें तुमकां दिसतलें ? त्यो होवयो बरयात.

---

## प्रश्नपत्रिका ४ थी

### रजोगुणलक्षण, तमोगुणलक्षण, सत्त्वगुणलक्षण

### (दशक २ समास ५, ६ आनी ७)

प्र. १ त्रिगुणावयल्यान मनशाचें वर्गीकरण खंच्या मुख्य गटान करपाक येता ? त्रिगुणाचें सारखें फळ सांगपी ओवी बरयात.

प्र. २ सकल दिल्ल्या होवयांच्या परत्या अर्थाच्यो होवयो 'सत्त्वगुण' समासातल्यान सोदून काडात आनी बरयात.

1. झगडें लावन दिवप | आपुण आपूरबायेन पळवप |
2. दुस-याक दुखोवपाचो आनंद | निष्ठुरपणाची हाव | संसाराचो दिसना त्रास | तो तमोगुण ||

प्र. ३ सकल रकान्यात दाखयल्याप्रमाण खंयचो गुण तें बरयात आनी होवयेचो नंबर बरयात.

| क्रिया | खंयचो गुण | होवयेचो नंबर |
|---|---|---|

१) संतांची पालखी येतकुच धावत दर्शनाक वचप सत्त्वगुण २-७-७७
२) देवाचें भजन करपाक तयार आसप
३) मनाविरुध्द कीदेंय जाल्यार जीव दिवप
४) देवळाचो जीर्णोध्दार करपाक वावरप
५) फळां येता तीं झाडां तोडप, देवळां भ्रष्ट करप
६) सकाळी न्हावपाची आवड आसप
७) 'हांव हुशार, हांव शक्तिमान ... ' अशो फुशारक्यो मारप
८) देव नवसाक पावलो ना म्हणून देवाची मूर्ती फोडप
९) स्वत:च्या जीवाची परवा करनासतना दुस-यांचो जीव वाचोवप
१०) हो संसार कसो सोपतोलो अशें चितत बसप

प्र. ४ प्रपंच-वासना पेटोवपी रजोगुणापासून सुटका करून घेवपाचो उपाय समर्थांनी सुचयला त्यो तीन होवयो बरयात.

प्र. ५ 'लडाय करप' हें काम तामसी आसलें तरी श्रीराम जांव श्रीकृष्ण हाणी केल्ल्या त्या कामाखातिर तांकां कित्याक लागून तमोगुणी म्हणपाक येना तीं कारणां सांगात.

# प्रश्नपत्रिका ५ वी

## सद्विद्यानिरूपण, विरक्तलक्षण

## (दशक २ समास ८ आनी ९)

प्र. १ सकल दिल्ल्या नंबराच्यो होवयो बरोवन संदर्भासयत अर्थ सांगात.

(१) २ - ८ - ३१ (२) २ - ८ - १३ (३) २ - ९ - २६

प्र. २ जे सद्गुण चडशे जोडयेन दिसना अशें समर्थांक दिसलें तांच्यो १५ जोडयो बरयात.

प्र. ३ २-८-१६ ते २-८-२३ या होवयांचो आधार घेवन सद्विद्येच्या मनशाचें भीतर-भायर वर्णन करात.

प्र. ४ समर्थांचो विरक्त हो समाजाकडेन फटकून वागपी एकांतिक विचाराचो मनीस न्हय तर लोकांक एकठांय करपी फुडारी आसता या विधानाचें खरेंपण स्पष्ट करा.

प्र. ५ १) तुमकां डायरी बरोवपाची संवय आसा ?

२) दिसपट्ट्यो अनुभव घेतलेल्यो ब-यो-वायट गोष्टीच डायरेन बरयता काय त्याबरोबर आत्मचिंतनुय करता?

३) फुडाराक करपाच्या गोश्टींची टिपणा तुमी करता ?

४) डायरी बरयना जाल्यार ताचीं कारणा बरयात.

---

## प्रश्नपत्रिका ६ वी

### निस्पृहव्याप

**(दशक ११ स. २ आनी द. १५ समास २)**

प्र. १ 'महंतान अंतरात्म्यासारकें आसचें' हाचें स्पष्टीकरण (द. ११- स. १०न) कशें केलां?

प्र. २ द. ११- स. १०न समर्थांचें आत्मचरीत्रुच आसा असो भास जाता अशो पाच होवयो बरयात.

प्र. ३ समर्थ संप्रदायासंबंदान खंची माहिती (द. ११ - स. १०) हातून आमकां मेळटा?

प्र. ४ महाराष्ट्रांतल्या तेन्नाच्या लोकांच्या परिस्थितिचें वर्णन (द. १५ - स. २) मदीं समर्थांनी कशें केलां?

प्र. ५ अ) सकल दिल्ल्या होवयांचो अर्थ बरयात.

१) १५ - २ - १४ २) १५ - २ - २८ ३) १५ - २ - ६

ब) समर्थ राविल्ल्या घलींत आसलेल्या तांच्या फोटोसकल एक ओवी बरवपाची आसा , अशी कल्पना करून (१५ - २) मदली नेमकी खंची ओवी निवडची अशें तुमकां दिसतलें, ती ओवी बरयात.

---

# प्रश्नपत्रिका ७ वी

## अध्यात्मिक ताप, आधिभौतिक ताप, आधिदैविक ताप

**(दशक ३ स. ६, ७ आनी ८)**

प्र. १ तीन तरांच्या तापांची नांवां बरोवन तांच्यो व्याख्या सांगपी होवयो बरयात.

प्र. २ फुडलो तक्तो पूर्ण करात. १ लें विधान नमून्याखातिर दिलां.

| क्र. | विधान | तापाचो प्रकार | ओवी क्रमांक |
|---|---|---|---|
| १ | आज्याचो चश्मो सांडलो. | आधिभौतिक | ३ - ७ - ४५ |
| २ | उसाच्या म ळ्याक दावेदारान उजो लायलो. | | |
| ३ | यात्रा करपाक गेल्ल्या मनशाचें धन चोरान लुटलें. | | |
| ४ | ऐन वयांत माधवराव पेशवो क्षयाचो रोगी जालो. | | |
| ५ | स्वा. सावरकर हांकां बंदखण भोगची पडली. | | |
| ६ | जाण्टेपणान प्रत्येकाक हो ताप जाता. | | |
| ७ | जन्माक आयला तेन्नाच्यान कुड्डेपण नशिबान येवप. | | |

प्र. ३ समर्थांच्या का ळान जो राजकीय छळ, अपघात आनी सासुरवास जातालो तो दाखोवपी एक एक ओवी बरयात.

प्र. ४ संदर्भासयत अर्थ स्पष्ट करात.

"अशी मर्यादा देवान घालून दिल्या | म्हणून नीतीन वागचें ||"

प्र. ५ गेल्ल्या १० वर्सां भीतर तुमकां त्रास दिल्ल्या एखाद्या तापाचो स्वत:चो अनुभव आसल्यार बरयात.

# प्रश्नपत्रिका ८ वी

## पादसेवन-भक्ती, अर्चनभक्ती, वंदनभक्ती

**(दशक ४ स. ४, ५ आनी ६)**

प्र. १ मुखार दिल्ल्या अर्थाचो ओवीचो भाग ज्या होवयेत आसा , त्यो पूर्ण बरयात.

१) साधकान श्रध्देन अभिवादन केलें जाल्यार ताच्या हिताची चिंता साधूक लागता.

२) पूजेचें सामान आपणालागीं आसा अशें मनान चितून तें देवा पायाकडेन अर्पण करचें.

३) शास्त्र, गुरु आनी स्वत:चो अनुभव ह्यो सगल्यो कसोट्यो लावन आपुण तेंच ब्रह्म जावचें.

४) रानां, बागो, तप करपी लोकांखातीर झोपडी बांदप ही जगन्नायकाची पुजा ताका अर्पण करची.

प्र. २ वंदनभक्ती समासान हिंदुधर्माचें खाशेलेंपण जी सहिष्णु वृत्ती तिची शिकवण कशी व्यक्त जाल्या तें सांगा.

प्र. ३ सद्गुरुच्या पायांकड़े शरणागत भाव आसचो हो समर्थांनी आग्रह कित्याक केला ?

प्र. ४ “नमस्काराच्या मोठेपणा” संबंदांत समर्थांनी किदें सांगलां ?

प्र. ५ मुखावयलीं विधानां चूक काय बरोबर तें स्पष्टीकरणासयत बरयात.

१. नमस्कार आनी साष्टांग नमस्कार हातून तारतम्य बाळगुचें.

२. अर्चनभक्ती म्हळे की पूजेचें सामान जायच.

३. आपलो थारायल्लो देव आसतना खंच्याय देवाक नमस्कार करप म्हळ्यार ढोंग.

## प्रश्नपत्रिका ९ वी

### दुश्चीतनिरूपण

### (दशक ८ स. ६)

प्र. १ मुखार दिल्ल्या अर्थाच्यो होवयो पूर्ण बरयात.

१) दुश्चितपणाच्या जोडेक आळस आसत जाल्यार मनशाच्या निद्राविलासाक कीदें तोटो?

२) दुश्चित मनशाचो संसार एखाद्या पिशाच्या संसारासारको किंवा कुड्ड्या , मोन्या , भेड्ड्या मनशासारको जाता.

३) जो सावध, यत्न करपी आनी शिटुक आसता ताका मोक्ष सहज मेळता.

प्र. २ दुश्चितपणाक लागून प्रपंच आनी परमार्थ या दोनूयकडे जावपी नुकसानाची कल्पना दिवपी तुमच्या दृष्टिन म्हत्वाचे चार मुद्दे सांगात.

प्र. ३ संदर्भासयत स्पष्टीकरण करात.

१. लोखंड परिसाक मेळ्ळे | इल्लोसो थेंब सागराक मेळ्ळो ||

२. दुश्चित बसला कसो दिसता | पुण तो आसुनूय नासता ||

प्र. ४ आ ळसाक वे ळ ना या हरशीं एकमेकाविरुद्ध दिसपी गोष्टीतल्यें खरेंपण समर्थांनी कशें समजोवन सांगलां?

प्र. ५ अर्थाचें अंतर प ळयनासताना बेष्टेंच श्रवण करतात तांका समर्थांनी पयलीं कसली उपमा दिली? ही उपमासुद्धा उणी पडता हें ताणीच कशें दाखोवन दिलां?

---

## प्रश्नपत्रिका १० वी

### राजकारणनिरूपण

### (दशक ११ स. ५ आणि दशक १९ स. ९)

प्र. १ समर्थांनी जीवनाविषयी सांगिल्ल्या चतु: सूत्रीतील राजकारणाचो क्रम सांगपी ओवी बरयात.

प्र. २ दासबोधातील होवयांचो आधार घेवन राजकारण कशें आसचें आणि कशें नासचें तें स्पष्ट करात.

प्र. ३ समुदायाच्या हव्यासाखातीर एकटेपण गरजेचें आसता हें प्रमेय समर्थांनी कशें मांडलां?

प्र. ४ "येक मिरासी साधता | येक आशिल्लें ना करता |
मोठेपणाची स्थिति | अशी आसा ||"
या होवयेचो अर्थ पांच ओ ळीत स्पष्ट करात.

प्र. ५ समर्थ रामदास हे भक्तिमार्गी संत आशिल्ले काय राजकारणी महंत आशिल्ले ?
काय या दोनायपरस तांचें व्यक्तिमत्व वेग ळेच आशिल्लें?
तुमकां या विषयी कितें दिसता , तें बरयात.

# प्रश्नपत्रिका ११ वी

## जनस्वभावनिरूपण आणि अंतर्देवनिरूपण

## (दशक १८ स. ७ आणि दशक १८ स. ८)

प्र. १ मुखार दिल्ल्या होवयांचो अर्थ बरयात.

(१) १८ - ७ - ६ (२) १८ - ७ - ३० (३) १८ - ८ - १६ (४) १ - ८ - २०

प्र. २ "द. १८-७ हातून मनशाच्या पारलौकिक कल्याणाइतलोच ऐहिक कल्याणाचो विचार प्रभावीपणान मांडला" या विधानाचें सत्य धा ओळीत स्पष्ट करात.

प्र. ३ तीर्थयात्रेपरस सत्संग चड महत्त्वाचो आसता हो विचार दशक १८-८ या समासात कसो मांडला? (१० ओळी)

प्र. ४ "खरो देव खंचो" हाजेर समर्थानी सांगिल्ले विचार बरयात.

प्र. ५ ज्या ओव्यांचे तक्ते करून दवरचे अशा तीन ओव्यांची निवड द. १८-७ या समासातल्यान करात. याच ओव्यांची वेचणुक करची अशें कित्याक दिसलें, तें बरयात.

# प्रश्नपत्रिका १२ वी

## जाणपणनिरूपण

**(दशक ९ स. ४)**

प्र. १ मुखार दिल्ल्या अर्थाच्यो होवयो वयल्या समासात आसात त्यो सोदून बरयात.

(१) प्रपंच आसुं वा परमार्थ आसुं, ज्ञानी मनीसुच तातुन यश मेळोवपाक पात्र ठरता. अज्ञानी मनीस व्यर्थ जीण जगता.

(२) बरे गुण हेच भाग्याचें लक्षण आसता. हें लक्षण नासत जाल्यार तो अवलक्षणी हें स्पष्टुच आसा.

(३) ज्ञान न मे  ळयता कोट्यावधि साधना जरी केली तरी मनशाक मोक्षाचो अधिकारी जावप शक्य ना.

प्र. २ काय लोक सम्पन्न तर काय लोक दुब  ळे, काय स्वच्छ तर काय बुरशे , हो भेद कित्याक दिसता अशें समर्थ म्हणतात? मनीस भाग्यहीन जावपाची मीमांसा समर्थांनी कशी केल्या?

प्र. ३  "व्याप तितलो संताप" ही म्हण समर्थांक मान्य आसा काय कीदें  ? होवयेच्या आधारान उत्तर बरयात.

प्र. ४ अज्ञानाखातिर मनशाची जें नुकसान जाता ताचें वर्णन ओवी क्र. २० ते २३ अखेर कशें केलां?

प्र. ५ (अ) दासबोध वाचपाखातिर दिसपट्ट्या कितलो वे  ळ तुमी दीव शकता?
वेग  ळ्या वहीत तुमी टिपणा काढटा काय कीदें?

(ब) तुमचो स्वभाव आणि वागणूक हातूत दासबोधातल्या विचारांखातिर बदल जाता अशें तुमकां दिसता?

(क) "पत्रातल्यान दासबोध अभ्यास" या उपक्रमाक लागून समर्थांचे विचार समजोवन घेवपाक तुमकां मदत जाल्या?

(ड) आमच्या या उपक्रमाचो तसेच दासबोध ग्रंथाचो प्रसार वाढचो म्हणून तुमी कशे भाषेन यत्न करपाक शकता?

(इ) समर्थांचीं जीं क्षेत्रां आसात तातुन तुमी खंयच्या क्षेत्रांत तुमी वचून आयल्यात  ?

(फ) दासबोध अभ्यास वर्गात तुमी भाग घेतला  ?

(ग) तुमचे सग          ळे स्वाध्याय पूर्ण जाल्या ? 'दासबोध प्रबोध' हो मुखावयलो अभ्यासक्रम तुमी पूर्ण करतले?